# दक्षता जागृताय सप्तकाचे उक्तावण

ता. 29 ऑक्टोबर 2018
7 कार्तिक 1940

मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा हांणी आयज पर्वरी सचिवालयात दक्षता संचालनालयान आयोजित केल्ल्या कार्यक्रमात दक्षता जागृताय सप्तकाचे उक्तावण केले. कार्यक्रमाक खाते प्रमुख, दक्षता अधिकारी आनी हेर सरकारी खात्याचे वरिश्ट अधिकारी हजर आशिल्ले.

हया वेळार उलयताना श्री.शर्मा हांणी सरकारी प्रशासनात पारदर्शकता आनी तत्परता हाडपाखातीर नेम आनी मार्गदर्शक तत्वांचे पालन करपाक सांगले. प्रशासन योग्य आनी कार्यक्षम जावपाखातीर पारदर्शकता म्हत्वाची आसा तशेंच प्रशासनात जावपी चूको सुदारपाक आवश्यक उपाय करपाचीय गरज आसा, अशें सांगले.

दक्षता खात्याचे विशेश सचिव श्री. गोविंद जयस्वाल हांणी प्रतिबंद, सहभाग आनी शिक्षा हयो तीन तरेच्यो दक्षता म्हत्वाच्यो आशिल्ल्याचे सांगून खाते प्रमुखानी सरकारी कार्यालयांनी भ्रश्टाचार निर्मूलनाखातीर प्रतिबंदात्मक धोरण आपणावचे अशें सांगले.

सुरवेत श्री. जयस्वाल हांणी उपस्थितांक एकात्मतेचो सोपूत दिलो. तशेंच मानेस्तांनी भारताचे लोहपुरूष सर्गेस्त सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या फोटवाक फुलांहार घालून आर्गां ओपली.

कार्यक्रमाक पुलीस अधिक्षक प्रियंका कश्यप, दक्षता खात्याचे अतिरिक्त संचालक स्नेहल पी.नाईक गालतेकर आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले. श्री.शशिकांत कामत हांणी येवकाराचे उलवप केले तर दक्षता अधिकारी श्रीमती दुर्गा किनळेकर हांणी उपकार मानले.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2018/1712